**<u>नागरी सेवा बॅडमिंटन आनी कबड्डी खेळां पंगड  निवड चाचणी</u>**

ता. 15 मार्च 2022

अखिल भारत नागरी सेवा सांस्कृतीक आनी खेळां मंडळ आनी हरयाणा सरकार हांच्या जोड पालवान ताऊ देवी लाल खेळां स्टेडिएम, सेक्टर-3, पंचकुला हांगां 24 ते 30 मार्च 2022 मेरेन  बॅडमिंटन आनी ताऊ देवी लाल खेळां स्टेडिएम, सेक्टर-38, गुरगांव, हरयाणा हांगां 28 ते 30 मार्च 2022 मेरेन  कबड्डी खेळां प्रकारात अखिल भारत नागरी सेवा सर्तींचे आयोजन करपात येतले.

ह्या खेळां सर्तींनी गोंय राज्याचे प्रतिनिधीत्व करपाक पंगड निवडपा खातीर खेळां आनी युवा वेव्हार खात्यान ता. 17 मार्च 2022 दिसा मनोहर पर्रीकर इंडोर स्टेडिएम हॉल मडगांव हांगां बॅडमिंटन आनी 19 ते 22 मार्च 2022 दिसा पं. जवाहरलाल नेहरू स्टेडिएम, फातोर्डा मडगांव हांगा कबड्डी निवड चाचणी आयोजीत केल्या.

सरकारी खात्यांचे नियमीत कर्मचारी आशिल्ल्या इत्सुक खेळगड्यांनी खात्याच्या मुखेल्यान सय केल्ले वळखपत्र आनी खेळपाच्या सामानासयत सकाळी 9.00 वरांचेर संबंदीत निवड चाचणेच्या थळार एपीईओ श्री. दिनेश देसाय हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/172

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji